**15 ऑगस्टाक स्वातंत्र्य सैनिकांखातीर बशीची वेवस्था**

ता. 7 ऑगस्ट 2017

16 श्रावण 1939

स्वातंत्र्य सैनिकांक पणजेच्या पोरण्या सचिवालयामुखार आनी पत्रादेवीच्या हुतात्मा स्मारकाकडेन जावपी स्वातंत्र्य दिस सुवाळयाक हजर रावपाक मेळचे म्हुण गृह खात्यान कदंब बशींची वेवस्था केल्या. ता.15 ऑगस्ट दिसा म्हापशेंच्या हुतात्मा चौकातल्यान सकाळी 8.00 वरांचेर जीए-03 एक्स-0238 ही कदंब बस स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन पणजे येतली.

पणजेच्या पोरण्या सचिवालयाकडलो स्वातंत्र्य दिस सुवाळयाचो कार्यक्रम सोपले उपरांत जीए-03 एक्स-0238 आनी जीए-03 एक्स-833 हयो बशीं स्वातंत्र्य सैनिकांक घेवन पत्रादेवी वतल्यो. जीए-03 एक्स-0238 हया बशीचो ड्रायव्हर श्री. सच्चीत एन.परब (फोन नं. 8412877508/2438034)आनी जीए-03 एक्स-0283 हया बशीचो ड्रायव्हर श्री. किशोर परब (फोन नं. 9923486255/2410311) हे आसतले. पत्रादेवीच्या कार्यक्रमाउपरांत दोनीय बशी पणजे परत येतल्यो.